**<u>आयुष मंत्र्याहस्तुकीं आयुष क्वाथ आनी गिलोई च्या पावडराच्या विक्रिचो शुभारंभ</u>**

ता. 4 जुलय 2020

केंद्रीय आयुषमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणी आयज कोरोना संसर्गाआड प्रतिकारशक्त वाडोवपाच्या आयुष क्वाथ आनी गिलोई च्या पावडर उत्पादनाच्या विक्रिचो शुभारंभ केलो. मुबंय स्थित आयएसओ 9001:2015 प्रमाणीत विभा नॅच्युरल प्रॉडक्ट ली. ह्या कंपनीन ही उत्पादनां तयार केल्यात.

श्री. नाईक हांणी विभा नॅच्युरल प्रॉडक्ट ली. कंपनीचे अध्यक्ष भुंयपूत श्री. भास्कर असोल्डेकर हांच्या प्रयत्नांची तोखणाय करून तांचे अभिनंदन केले. जो मेरेन कोरोना दुयेंसाचेर कायम उपाय येना तो मेरेन लोकांनी आपल्या कुडीची प्रतिकारशक्त वाडोवपाचेर भर दिवपाची गरज उकतायली. लोकांनी आपली प्रतिकारशक्त वाडयली जाल्यार कोरोनाचो संसर्ग जावपाची शक्यताय उणी जातली. तशेंच लोकांनी सामाजीक अंतर पाळप, नितळसाण पाळप आनी हेर मार्गदर्शक तत्वांचे पालन कापाचीय गरज तांणी उकतायली.

कोरोनाआड अनेक कंपन्याकडल्यान एलोपथीक वखदांचेर संशोधन चालू आसा, सध्या रेमडेसीवीर आनी फ्लावीपिरावीर ह्या दोनूच वखदांचो प्रचार चालू आसा. ह्या वखदांच्या वापराखातीर नेटान प्रयोग चालू आसा. मजगती भारत बायोटॅक कंपनीन तयार केल्ल्या वासीनाक भलायकी मंत्रालयान परवानगी दिल्ली आसा. हायड्रोक्सीक्लोरोक्विन हेय वखद कोरोनाआड परिणामकारक आशिल्ल्याचे मानतात. तरी आसतना कोरोना दुयेंसाचेर कायम उपाय आतामेरेन सापडूक ना.

प्रतिकारशक्त वाडोवपाखातीर आयुर्वेदीक उत्पादनाचीय शिफारस जायत आसा. आयुष क्वाथ पावडरान तुळशी, तिखी, जिंजर, काळी मिरी, क्षार अशें आयुर्वेदीक घटक आसात. गिलोई च्या पावडरान गुळवेल सारखे प्रतिकारशक्त वाडोवपी घटक आसात. तीन म्हयने मेरेन ह्या पावडराची च्या घेतली जाल्यार संसर्गाआड लडपाक जाय ते प्रमाण प्रतिकारशक्त आंगात तयार जाता, अशें मानतात. ही दोनीय उत्पादनां गोंयच्या मुखेल फार्मासींनी उपलब्ध आसतली.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2020/363

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA